## हस्तकला महामंडळा वतीन सेवा पखवाडा कार्यक्रमाचे आयोजन

ता. 24 सप्टेंबर 2025

गोंय हस्तकला, ग्रामीण आनी लघू उद्देग विकास महामंडळान हस्तकला , टेक्सटायल आनी कॉयर खात्याच्या जोड पालवान फाल्या ता. 25 सप्टेंबर दिसा सांजेच्या 4.00 वराचेर संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा सेवा पखवाडा कार्यक्रमाचे आयोजन केला. गोंयचें हस्तकला आनी विणकाम कारांगीर ह्या कार्यक्रमात सहभागी जातले.

ह्या कार्यक्रमात चिकण मातयेपासून गणेश मूर्ती तयार करपी कारांगीरांचो सन्मान जातलो तशेंच तांका अनुदान वाटप करपात येतले. तशेंच प्रधानमंत्री विश्वकर्मा कारांगीरांक साहित्य, लुम्स, आनी रीण मंजूरी पत्रां भेटोवपात येतली.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, हस्तकला खात्याचें मंत्री श्री. रवी नाईक, हस्तकला, ग्रामीण आनी लघू उद्देग विकास महामंडळाचे अध्यक्ष आनी आमदार श्री. प्रविण आर्लेकर, वेवस्थापकीय संचालक सगुण वेळीप ह्या कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/780

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.